**तरणाट्यांक प्रशिक्षीत करपाक कुशळटाय केंद्र सुरू करतलें- मुख्यमंत्री**

ता. २ जुलय 2021

युवकांक प्रशिक्षीत करपाखातीर मोपा विमानतळार सप्टेंबर म्हयन्यात कुशळटाय केंद्र सुरू करपात येतले, अशें  मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज मोपा हांगा जैवविविधताय येवजणेखाला उपसा जलसिंचन प्रकल्पाच्या कामाची सुरूवात केले उपरांत उलयताना सांगलें.

उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर, जिल्हा पंचायत वागडी श्रीमती सिमा खडपे, मुखेल अभियंते श्री. बदामी, जैवविविधताय प्रकल्प अधिकारी श्रीमती पल्लवी राऊत आनी हेर ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

मोपा विमानतळा सयत पेडणे म्हालातले सगळें म्हत्वाचे प्रकल्प पुर्ण करपाक सरकाराचे यत्न आसतले, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

मोपा विमानतळ प्रकल्पा खातीर झाडां कातरची पडली आसली तरी मोपा वाठारांत एक लाख झाडां लावपात येतली, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. मोपा गांवात रोपवाटिका सुरू केल्ले खातीर मुख्यमंत्र्यान श्री. सत्यविजय सावंत हांची तोखणाय केली.

उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी आपल्या उलोवपात सरकारान शेती मळार साबार उपक्रमं सुरू केल्ल्याचे सांगून जैवविविधताय प्रकल्पाचो सगळ्यां ग्रामस्थांक फायदो जातलो, असें सांगलें. मोपा विमानतळ प्रकल्पात रोजगाराखातीर पेडणे म्हालातल्या थळाव्या नागरिकांक पयले प्राधान्य आसतले, अशेंय तांणी सांगले.

सुरवातीक श्रीमती सिमा खडपे हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो आनी श्री. सत्यवान नाईक हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/5

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji